१६-०५-२०२५

सकाळी – ७.२५

प्रादेशिक खबरो

पी एस आय भरती – १५०

कर्मचारी भरती आयोगा वरवीं नव्यान भरती जावपी पुलीस उपनिरीक्षक (पीएसआय) पदां खातीर सध्या सेवेंत आशिल्ले पुलीस शिपाय, हवालदार आनी साहाय्यक पुलीस उपनिरीक्षक हांचे खातीर पिरायेची अट मेकळी करून ऑनलायन अर्जाच्या नमुन्यांत गरजेच्यो सुदारणा केल्यात. पीएसआय पदां खातीर इत्सुकांनी सेवा उण्यात उणी ३ वर्सांची आसप गरजेचें. गोंय कर्मचारी भरती आयोगान हे विशींची नोटीस जारी केल्या.

कर्मचारी भरती आयोगान हेर जायत्या पदां सयत पुलीस उपनिरीक्षकांची (पीएसआय) १८७ पदां भरपा खातीर जायरात दिल्या. १८७ पदां मदलीं ३० पदां बायलां खातीर आसात. हाचे भायर एससी, एसटी, ओबीसी, खेळगडे ह्या गटां खातीर राखीव जागे आसात.

सेवेंतले पुलीस शिपाय, हवालदार आनी साहाय्यक पुलीस उपनिरीक्षक हांकां अर्ज करप शक्य जावचें म्हणून ऑनलायन अजार्न्त गरजेचे बदल केल्यात. सेवेंतल्या पुलिसां खातीर पिरायेचे मर्यादेंत सूट मेळटली. अर्थीक नदरेन मागास , हेर मागासवर्गीय आनी उक्त्या गटा खातीर ४० वर्सां पिराय आशिल्ले अर्ज करपाक पात्र आसात. एससी/ एसटी गटांत ४५ मेरेन पिराय आशिल्ले अर्ज करपाक पात्र थारतात अशें आयोगान स्पश्ट केलां.

मडगावच्या बसका – १७०

मडगावच्या न्यू मार्केट आनी गांधी मार्केट ह्या दोन सुवातींनी जी कामां हातात घेतल्यात तांचो नियाळ घेवपा खातीर काल मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांच्या अध्यक्षते खाला जिल्लोधिकारी कार्यालयांत बसका जाली. हे बसकेंत अतिरिक्त जिल्लोधिकारी श्रीनेत कोटवाळे, येरादारी पुलीस निरिक्षक संजय दळवी, वीज खात्याचे अधिकारी, आनी बाजार समितीचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

न्यू मार्केट आनी गांधी मार्केटांत गरजेचें दुरुस्तीचें काम रोखडेंच पुराय करपाचे आदेश ह्या वेळार दिले. ह्या दोनूय मार्केटांतल्या वीज लायनींची दुरुस्ती करपाचो आदेश वीज खात्याक दिला. दोनूय मार्केटांतल्या उदरगतीच्या कामांची वळेरी तयार करपा खातीर उपसमितीची नेमणूक केल्या आनी आयज ही समिती आपलो अहवाल सादर करतली. तेच प्रमाण ही समिती हीं कामां नेमके केन्ना सुरू करचीं तें थारायतली.

आमदार निधीचो उपेग करून नव्या मार्केट इमारतीचें काम हातात घेतला. हातूंत मार्केटाचे छप्पर दुरुस्त करप, रंगोवप, बाजारांत टायल्स घालप, बाजारपेठेची गेट दुरुस्त करप हांचो आस्पाव जाता. दुसरे इमारतीचें काम बेगीन सुरू जातलें अशें सांगिल्लें अशें कामत हांणी सांगलें.

ह्या दोनूय मार्केटात उजो लागपाची घडणूक घडल्यार तो पालोवपाक उदक लागी आसचे ह्याखातीर दोनूय सुवातींनी उदकाचे हायड्रंट बसोवपाचो निर्णय घेतला अशें कामत हांणी सांगलें.

प्रवेश प्रक्रिया – ८०

२०२५/२६ शिक्षणीक वर्सा खातीरची बीए.बी.एड आनी बी.एससी.बी.एड एकत्रीत कार्यावळीं खातीर ऑनलायन प्रवेश प्रक्रिया मुजत आयज म्हळयार १६ मे दिसा सोंपतली अशी म्हायती उच्च शिक्षण संचालनालयान दिल्या. इत्सूक पात्र विद्यार्थ्यांनी बेगोबेग प्रवेश प्रक्रिया पुराय करची अशें य उच्च शिक्षण संचालनालयान मांगलां. विद्या प्रबोधिनी कॉलेज ऑफ कॉमर्स, एज्युकेशन, कम्प्यूटर अँड मॅनेजमेंट, विद्यानगर, आल्तो-पर्वरी, गोंय आनी हरमल पंचक्रोशी शिक्षण मंडळाचे गणपत पार्सेकर कॉलेज ऑफ एज्युकेशन, विद्या संकुल, भोम, पठार, हरमल ह्या कॉलेजीनी शिक्षणीक वर्स २०२५/२६ खातीर पात्र उमेदवारांनी अर्ज करपाचो उलो उच्च शिक्षण संचालनालयान मारलां.

गोवा कोकणी अकादेमी अध्यक्ष – ७०

गोवा कोकणी अकादेमीचे अध्यक्ष म्हूण सरकारान पूर्णानंद च्यारी हांची नेमणूक केल्या. हे विशीची अधिसूचोवणी सरकारान जारी केल्या. फुडल्या तीन वर्सां खातीर ते अध्यक्ष आसतलें. हे भायर अकादेमीचे सदस्य म्हूण रमेश घाडी, संतोष केरकार आनी माया खरंगटे हांची नेमणूक केल्या. प्रा. अरूण साखरदांडे हाणी राजीनामो दिले उपरांत कोकणी अकादेमीचे अध्यक्षपद खाली आशिल्ले. उपाध्यक्ष वसंत सावंत हांची कार्यकारी अध्यक्ष म्हूण सरकारान नेमणूक केल्ली. आता पूर्णानंद च्यारी हांची पुराय वेळ अध्यक्ष म्हूण नेमणूक जाल्या.

हवामान - ९०

मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयांतल्या काय सुवातेर आयज गडगड आनी जोगला सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला. गोयांत फुडल्या दोन दिसांत वाऱ्याचो वेग 45 ते 55 किलो मिटर मेरेन पावपाची शक्यताय आसा. ईतले मजगतीं हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण पणजेंत चडांत चड 35.9 तापमान अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 27.4 अंश सेल्सियस नोंद जालां. जालयार मुरगावांत चंडांत चड 34.8 जालयार उणयात उणे 27.8 तापमानाची नोंद जालया. फुडले ५ दीस गोंयांतलें चडांत चड 35 तापमान अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 27 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

बुध्दीबळ सर्त – ६०

खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालय आनी केंद्रीत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळा मंडळाचे वतीन अखील भारतीय नागरी सेवा बुध्दीबळ सर्त २१मे सावन ३० मे मजगतीं जातली.ही सर्त पेडें म्हापशेच्या भाऊसायब बांदोडकार खेळा संकुलांत खेळयतले.राष्ट्रीय पावंड्यावयले वेगवेगळया राज्यांतलें सुमार ३५ दादल्यांचें पंगड आनी ३२ बायलांचे पंगड मेळून सुमार ५०० खेळगडी हें सर्तींत वांटेकार जातले. गोंयभरच्या बुध्दीबळ खेळगड्यानी हें सर्तीचो लाव घेवचो अशे जाळवणदारांनी कळीत केलां.